# जिल्हो पंचायत आनी ग्रामपंचायत वार्डाखातीर पोटवेंचणूक

ता. 1 ऑगस्ट 2017

10 श्रावण 1939

राज्य वेंचणूक आयोगान दक्षिण गोंयातल्या नुवें आनी कुडतरी आनी उत्तर गोंयातल्या कळंगुट आनी खोर्ली जिल्हो पंचायत मतदार संघ तशेंच साश्टीतल्या धर्मापूर-शिर्ली ग्रामपंचायत वार्ड नं.4 आनी सत्तरीतल्या मोर्ले ग्रामपंचायत वार्ड नं.3 खातीर ता. 20 ऑगस्ट 2017 दीसा पोटवेंचणूक घेवपाचे जाहीर केला. जिल्हा पंचायतीखातीर राजकीय पातळीचेर वेंचणूक जातली.

निर्वाचन अधिका-याच्या कार्यालयात ता. 6 ऑगस्टाचो आयतार सोडून ता. 1 ते 8 ऑगस्ट 2017 मेरेन सकाळी 10.00 ते दनपरा 1.00 हया वेळेत उमेदवारी अर्ज स्वीकारतले. उमेदवारी अर्जाची छाननी ता. 9 ऑगस्ट 2017 दीसा जातली. उमेदवारी अर्ज फाटी घेवपाची निमणी ता. 10 ऑगस्ट 2017 दीसा सकाळी 10.00 ते दनपरा 2.00 मेरेन आसा.

मतदान ता. 20 ऑगस्ट 2017 दीसा सकाळी 8.00 ते सांजवेळा 5.00 हया वेळेत जातले आनी ता. 21 ऑगस्टाक मतमोजणी जातली. उमेदवारांखातीर खर्च मर्यादा 5 लाख रूपया आसा.